## राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक ओणम सणाची परबीं

ता. 14 सप्टेंबर 2024

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून केरळ आनी संवसारभरांतल्या हेर केरळीयन समाज बांधवांक ओणम सणाच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ओणम हो केरळ राज्याचो एक व्हड आनी खुप म्हत्वाचो उत्सव आसा. ओणम उत्सव हो मोग, भावपण आनी सामाजीक सलोख्याचे प्रतिक जावन आसा. हो लुंवणीचो उत्सव केरळचे लोक धर्म वा पंथ भेदभाव करीनासतना मनयतात. राजा महाबलीक आपल्या मायभूंयेत येवकार दिल्ल्याचो उत्सव म्हूण ओणम सण मनयतात, जांणी आपल्या राज्याखातीर त्याग केलो.

ओणम हो 10 दिसांचो सण भावपण आनी सांस्कृतीक बंधन मजबूत करता, लोकांक एकजूटीचे म्हत्व समजायता. ओणम उत्सवातल्यान समाजात समानताय आनी आपलेपणाची भावना वाडटा. काळजा-मनात आनी घराघरांनी उमेदीचे वातावरण निर्माण जाता.

ह्या वर्सा ओणम उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत भरपूर खुशालकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/482

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.